**नौदळाचो गोळीबार सराव- नाविकांक सुचोवणी**

ता. 5 जून 2024

नौदळाच्या जवानांखातीर ता. 18 जून 2024 दिसा सकाळी 9.00 ते दनपारां 1.00 वरां मजगती मुरगांव हेडलॅण्ड सडा हांगा गोळीबाराचो सराव जातलो. गोळीबार सरावाक लागून दर्यावटेनच्या 15 नॉटिकल मैल वाठारांत प्रवेश करप धोक्याचे आसा. तशेंच हवेत 7,100 मिटर उंचायेमेरेन गोळीबार सराव जातलो.

ते खातीर सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी गोळीबाराच्या काळांत वयल्या धोक्याच्या दर्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें नौदळ विभागान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/245

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.